Panaji national 15.08.2025 at 6.30pm

रोजगार 100

आयज देश 79वो स्वातंत्र्य दीस मनयता. दिल्लींत इतिहासिक लाल किल्यावेल्यान ह्या उत्सवाचें फुडारपण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी केले. ह्या प्रतिष्ठित स्मारकाचेर राश्ट्रीय ध्वज ताणी हुबयलो आनी राष्ट्राक संबोधीत केले. संरक्षण, तंत्रगिन्यान, उर्जा, अंतरिक्ष आनी उत्पादन ह्या मळार भारताची प्रगती सांगून आत्मनिर्भर भारत ही विकसीत भारताची म्हत्वाची बुन्याद अशें प्रधानमंत्री हांणी रेखांकित केलें. भारताच्या संरक्षण आत्मनिर्भरतेचें प्रदर्शन म्हणून ऑपरेशन सिंदूराची ताणी तोखणाय केली. प्रधानमंत्र्यान देशांतल्या तरणाट्यां खातीर एक लाख कोटी रुपयांची प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजण जाहीर केली. हे येवजणे खाला खाजगी क्षेत्रांत नवी नोकरी करपी तरणाट्यांक एक म्हयन्याचो ईपीएफ वेतन प्रोत्साहन म्हणून 15 हजार रुपया मेरेन सरकारा कडच्यान दितले. ही रक्कम स म्हयन्यांच्या दोन हत्यांनी दितले.

अंतरिक्ष 80

आंतरराष्ट्रीय अंतरिक्ष केंद्रांतल्यान परतलेल्या गट कॅप्टन शुभांशू शुक्लाच्या उल्लेखनीय कामगिरीची खोस मनयतना प्रधानमंत्रयान भारताच्या स्वताच्या अंतरिक्ष केंद्रा खातीर महत्वाकांक्षी येवजण्यो जाहीर केली. अंतरिक्ष क्षेत्रांत भारत गगनयाना खातीर तयारी करता अशें मोदी हांणी नदरेक हाडलें. उपग्रह, संशोधन आनी अत्याधुनीक अंतरिक्ष तंत्रगिन्यानांत ३०० वयर स्टार्टअप सक्रीयपणान नवनिर्माण करतात, जाका लागून भारत फकत सहभागी न्हय तर अंतरिक्ष विज्ञान आनी संशोधनांत संवसारीक फुडारी जाला अशें तांणी मत उक्तायलें. मोदी हांणी तरणाटे शास्त्रज्ञ, प्रतिभावान तरणाटे, अभियंते, वेवसायीक आनी सरकाराच्या

दरेका खात्याक विमानां खातीर मेड इन इंडिया फायटर जेट इंजिन तयार करपाचो उलो मारलो

GST 70

दिसपट्ट्या वस्तूंचेर कर उणो करपाचो हेतून हे दिवाळे मेरेन फुडले पिळगेची जीएसटी सुदारणा चालीक लावपाची घोशणा =प्रधानमंत्र्यान केली. ह्या सुदारणांक लागून सामान्य मनीस, शेतकार, मध्यमवर्गीय आनी सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक सुटका मेळटली आनी अर्थीक कार्यावळीक चालना मेळटली अशें तांणी सांगलें. फुडले पिळगेंतल्या सुदारणांक चालना दिवपा खातीर एक समर्पीत सुदारणा कार्यदळ तयार करपाचीय घोशणा प्रधानमंत्र्यान केल्या. 2047 मेरेन भारताक 10 ट्रिलियन डॉलर अर्थवेवस्थेच्या मागण्यांक तयार करप हें आपलें कर्तव्य अशें तांणी सांगलें.

सिंधू पाणी 75

ऑपरेशन सिंदूरच्या शूर सैनिकांना मोदींन सलाम केलो . त्यांनी भारतीय सशस्त्र दलांनी पाकिस्तानमधल्या दुस्मानाच्या हद्दीत शेकडो किलोमीटर हल्ला केलो आणि दहशतवाद्यांच्या मुख्यालयांक मातीभरवण केले हचेर उजवाड घालो .ताणी म्हणले की, पहलगामात दहशतवाद्यांनी केल्या भयानक कृत्याक लागून प्रत्येक भारतीय चाळवलो आणि ऑपरेशन सिंदूर हो त्यांच्या संतापाची अभिव्यक्ती आसा . मोदीन म्हणले की, भारतान आता निर्णय घेतला की, रक्त आणि उदक एकठाय व्हाव्चे ना.ताणी नमूद केले की देशात लोकांक आता हे समजला की सिंधू उदक कबलात अन्याय अशिली

Imd 20

हवामान खात्यान 17 ऑगस्ट मेरेन सतत पावस पडपाचो अदमास दीला. चंबा, कांगडा मंडी आणि शिमला हांगा व्हड ते सामको दडकानी पावस पडपा खातीर ओरेंज अलर्ट जारी केला

स्पोर्ट्स 15

एथलेटिक्सांत इझ्राएलांत जाल्ल्या ग्रॅण्ड स्लॅम जेरुसलेम 2025 सर्तींत बायलांच्या 2000 मीटर स्टीपलचेस सर्तींत भारताची अंकिता ध्यानान जैत मेळयलें.